# <u>राज्यपालाकडल्यान गुरू नानक जयंतीनिमतान परबीं</u>

ता. 22 नोव्हेंबर 2018
1 मार्गशीर्ष 1940

गोंयच्यो राज्यपाल डॉ. श्रीमती मृदुला सिन्हा हांणी गुरू नानक देव हांच्या जयंतीनिमतान गोंयच्या लोकांक आनी खास करून शिख समाजातल्या भाव-भयणांक परबीं आनी शुभकामना भेटयल्यात.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, ''गुरू नानक जयंती हो भारतातलो एक लोकप्रिय उत्सव आनी हो उत्सव गुरू नानक देव हांच्या जयंतीनिमतान देशातल्या शिख समाजाकडल्यान मोठया उमेदीन मनयतात. गुरू नानक देव हे दिव्यदृश्टीचे एक म्हान संत आशिल्ले, जांणी संवसाराक आध्यात्मिक, नैतिकता, मानवता,भक्ती आनी सत्याचे गिन्यान दिले, त्या खातीर हया दिसाक ''प्रकाश उत्सव''अशेंय म्हणटात. तशेंच हो दीस तांची शिकवण आचरणात हाडपाक आनी वानसा, आस, आपसुवार्थ, राग-व्देश आनी अहंकार हया पाच दुर्गुणांचेर मात करपाखातीर आनी ईश्वराच्या निःस्वार्थ सेवेखातीर समर्पित जांवपाखातीरय हो दीस मनयतात. सगळया भावार्थातल्या लोकांमदी शांतीकाय आनी भावपण हाडपाखातीर तांणी निधर्मी भावनेक म्हत्व दिले.

आमी आमच्या दिवपट्टे जीणेत गुरू नानक देव हांची बहुमुल्य शिकवण आनी संदेश आचरणात हाडपाचो प्रयत्न करूया, जेणे करून आमका शांतीकायेन आनी सलोख्यान जगपाक मेळटले, अशें राज्यपाल फुडें म्हणटा.

मा/सप/जीपीपी/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1753